# <u>अखिल गोंय प्रस्नमंजूशा सर्तीत कुजीराच्या डॉ. के. ब. हेडगेवार उच्च माध्यमिक विद्यालयाक जैत</u>

ता. 7 डिसेंबर 2023

राज्य सरकारावतीन अंमलबजावणी करपात येवपी विविध कल्याणकारी येवजणांविशीं लोकांमदीं आनी खास करून विद्यार्थ्यीं वर्गामदीं जागृताय करपाच्या उद्देशान म्हायती आनी प्रसिध्दी संचालनालयान काल पणजे इन्स्टिट्यूट मिनेझिस ब्रागांझा सभाघरांत "गोंय सरकारच्यो कल्याणकारी येवजणो" ह्या विशयाचेर आयोजीत केल्ल्या अखिल गोंय पांवड्यावयल्या "आंतर-उच्च माध्यमिक शाळा प्रस्नमंजुशा सर्तीत कुजीराचे डॉ. के. ब. हेडगेवार उच्च माध्यमिक विद्यालय जैतिवंत थारले. डॉ. के. ब. हेडगेवार उच्च माध्यमिक विद्यालयाचे वेदांग गांवकर आनी मोहित तळावलीकर हांका सर्तीचें पयले इनाम रोख 15,000/- रूपयां, ट्रॉफी आनी प्रशस्तीपत्र फावो जाले.

सर्तीचे दुसरे इनाम रोख 10,000/- रूपयां, ट्रॉफी आनी प्रशस्तीपत्र कुडतरीच्या सेंट आलेक्स हायर सेकंडरीच्या फाजेल फर्नांडिस आनी सानिया हट्टेवाडी हांका जाल्यार तीसरे इनाम रोख 8,000/- रूपयां, ट्रॉफी आनी प्रशस्तीपत्र वाळपयच्या अवर लेडी ऑफ लुर्डिस हायर सेकंडरीच्या पुर्वी ठाकूर आनी रेहान सात्विलकर हांका फावो जाले. सर्तीचे चौथे इनाम रोख 5,000/- रूपयां, ट्रॉफी आनी प्रशस्तीपत्र पेडणेच्या हरमल पंचक्रोशी उच्च माध्यमिक विद्यालयाच्या वेदांती वस्त आनी सायली व्ही. नाईक हांका फावो जाले.

राज्यातल्या पन्नासा वयर उच्च माध्यमिक विद्यालयांनी सर्तीत वाटो घेतिल्लो. पंगडांखातीर पयली 50 प्रस्नांची लेखी मुळावी फेरी जाली आनी ह्या लेखी फेरीतल्यान 4 उत्कृश्ट पंगडांची निवड केली. अंतीम फेरीखातीर निवड जाल्या पंगडांखातीर ऑडिओ व्हिज्युअल प्रस्नांच्यो पाच फेरी जाल्यो. नागेश सरदेसाय हे सर्तीचे क्विज मास्टर आशिल्लें.

उपरांत जाल्ल्या इनामां वाटपाच्या कार्यक्रमाक म्हायती आनी प्रसिध्दी सचीव श्री. सुभाष चंद्रा हे मुखेल सोयरे म्हूण हाजीर आशिल्लें. तांच्या हस्तुकीं सर्तीच्या जैतिवंताक इनामां भेटयली.

ह्या वेळार उलयतना श्री. सुभाष चंद्रा हांणी राज्य सरकारच्या कल्याणकारी येवजणांच्या विशयाचेर उच्च माध्यमिक शाळांच्या विद्यार्थ्यांखातीर प्रस्नमंजुशा सर्त आयोजीत केल्ले खातीर म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याची तोखणाय केली आनी अशा प्रकारच्या सर्तीक लागून सर्तीत वाटो घेतिल्ल्या विद्यार्थ्यांच्या माध्यमातल्यान समाजातल्या लोकांमदी सरकारच्या कल्याणकारी येवजणांविशीं जागृताय जावपाक मदत जातली अशें सांगलें. जायरातीं आनी हेर माध्यमावरवीं सरकारी कल्याणकारी येवजणांची जागृताय करतात, पुण विद्यार्थ्यांक सहभागी करून अशा सर्तीचे आयोजन केल्ल्यान चड आनी बरो परिणाम दिसून येतलो, अशें तांणी सांगलें.

अशां उपक्रमांक लागून विद्यार्थ्यांक सरकारी येवजणो आनी उपक्रमांची म्हायती जातली आनी तांच्या ज्ञानात भर पडटली,तशेंच तांचेमदी देशाच्या प्रगतीखातीर कर्तव्याची भावना निर्माण जातली, अशेंय तांणी सांगलें.

म्हायती अधिकारी श्री. प्रकाश नाईक हांणी मानेस्तांक येवकार दिवन सर्त आयोजीत करपा फाटलो उद्देश आनी खात्यावतीन राज्य सरकाराच्यो येवजणो लोकांमेरेन पावोवपाखातीर करपात येवपी उपक्रमांची म्हायती दिली.

सहाय्यक म्हायती अधिकारी श्री. श्याम गांवकर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/935

---

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.